**11 सप्टेंबराक पेडणेच्या आयटीआय केंद्रात अप्रेंटीसशीप मेळावो**

ता. 6 सप्टेंबर 2023

कुशळटाय विकास आनी उद्देजकताय संचालनालयान 11 सप्टेंबर 2023 दिसा पेडणेच्या सरकारी आयटीआय केंद्रात प्रधानमंत्री राष्ट्रीय अप्रेंटीसशीप मेळावो आयोजीत केला. ह्या अप्रेंटीसशीप मेळाव्यात अनेक भौशीक आनी खाजगी आस्थापनां सहभागी जातली. अप्रेंटीसशीप कायदो 1961 खाला अप्रेंटीस म्हूण उमेदवारांची भरती करपात येतली.

इत्सुक आयटीआय प्रशिक्षणार्थ्यी आनी हेर थळाव्या युवकांनी नावनोंदणी करपा खातीर सकाळीं 10.00 वरांचेर मेळाव्याच्या थळार उपस्थित रावचे. आपले करिअर घडोवपाक युवकांक ही बरी संद आसा.

चड म्हायती खातीर पेडणेच्या सरकारी आयटीआय केंद्रात- 0832- 2954341 / 9923144341 ह्या फोन नंबराचेर संपर्क करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/700

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.